27 April 2025 सकाळी -7.25

आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं

पीएम मन की बात -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीर जावपी 'मन की बात' कार्यावळींत, देश विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो, हो 121वो भाग आसतलो. ही कार्यवळ पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, AIR न्यूज संकेतथळ, News on air मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातली. तशेंच AIR न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर हाचो थेट प्रसारण जातली. आकाशवाणी, हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच, प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतले.

---------------------------------------------------

Shripad Rojgar -

नव्यान नेमिल्ल्या सरकारी कर्मचाऱ्यांनी राष्ट्रीय सेवा करून, देशाचे उदरगतींत योगदान दिवचें. राष्ट्राची सेवा आनी लोकसेवा करप हें तांचें मुखेल कर्तव्य, अशें मत केंद्रीय वीज राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी उक्तायलें. शेनवारा केंद्रीय रोजगार मेळाव्याच्या पंदराव्या टप्प्या खाला, 47 जाणांक नेमणूक पत्रां वांटपाची कार्यावळ जाली. ह्या वेळार ते उलयताले. ह्या वेळार अबकारी आयुक्त सुधीर देशमुख, जीएसटी आयुक्त बिपिन कुमार उपाध्याय आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले. लोकांचो विस्वास मेळोवपा खातीर प्रामाणीकपणान, समर्पण आनी नम्रतायेन वावुरचें, अशें तांणी म्हणलें.

आयकर, अबकारी खातें, भारतीय रेल्वे, स्टेट बँक ऑफ इंडिया, टपाल आनी हेर केंद्रीय खात्यांत भरती करपाखातीर परिक्षा येसस्वीपणान पास जाल्ल्या कर्मचाऱ्यांक, नेमणूक पत्रां दिल्यांत. देशभरांतल्या 51 हजार तरणाट्यांक आत्मनिर्भर केलां. कर्मचाऱ्यांनी शिस्तींत काम करून देशाची सेवा करची, अशें सुधीर देशमुख हांणी सांगलें.

---------------------------------------------------

गोंय पुलीस अलर्ट मोडार -

पहलगाम हल्ल्या उपरांत, म्हत्वाच्या भौशिक सुवातींनी पुलीस बंदोबस्त वाडयलां. पोरण्यां गोंय पुलिसांनी चिंबल, मेरशे आनी सांताक्रूझ वाठारांत, व्हड प्रमाणांत सत्यापन मोहीम सुरु केल्या. ह्या कारवायेंत 252 जाणांक ताब्यांत घेतलां, तातुंतल्या 21 जाणांक प्रतिबंधात्मक ताब्यांत दवरल्यात आनी 12 जाणांचेर हेर कायदेशीर कारवाय केल्या.

पर्वरी पुलीस स्टेशनाच्या हद्दींतल्या, मॉल दी गोवात काल रातीं पुलीस निरिक्षकांनी मॉलाच्या, सुरक्षा रक्षकांक सगल्या सुरक्षा गजालींविशीं सविस्तर सुचोवण्यो दिल्यो. राज्यांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी अशे तरेचे उपक्रम चलताले.

आतां विमानतळ, रेल्वे स्टेशनां, पर्यटन थळां, बस स्टँण्डाचेर खर सुरक्षा वेवस्था आसतली. सप्तकी बाजारांतल्या विक्रेत्यांची तपासणी जातली. राज्यांत 856 ट्रॉलर आनी 1,206 बोटी आसात. तशेंच ट्रॉलर आनी बोटींतल्या कामगारांक, बायोमेट्रीक कार्ड दिवन तांचेर नियंत्रण दवरपाचो प्रस्ताव आसा.

-----------------------------------------------

South Goa Checking -

पेहालगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत पुराय देशात भायल्या, स्थलांतरीतांची तपासणी चालू जाल्ली आसा. हे फाटभुंयेचेर दक्षिण गोंय पुलिसांनी, बेकायदेशीर रितीन रावपी लोकांची तपासणी मोहीम सुरू केल्या. मडगावच्या मालभाट वाठारांतल्या झोपडपट्ट्यांची, पुलिसांनी तपासणी केली. तेन्ना कांय भाडेकार, बेकायदेशीर रितीन बांदिल्ल्या झोपड्यांनी रावतात, अशें दिसून आयलें. भलायकी खातें आनी वीज खात्याच्या अधिकाऱ्यांनीय, ह्या थळाची पळोवणी केली. बेकायदेशीर झोपडपट्टी, प्रशासनान मोडून उडोवपाची मागणी, मडगांव पुलिसांनी केल्या.

-----------------------------------------------

Biodiversity Awards -

गोंय राज्य जैव विवीधताय मंडळान, जैविक विवीधताय सांबाळ पुरस्कार 2025 खातीर अर्ज मागयल्यात. पुरस्कार पाच वर्गांनी दितात. जैविक विवीधताय वेवस्थापन समिती- उत्तर आनी दक्षीण गोंय दरेकी एक, जैविक विवीधताय सांबाळ वैयक्तीक वर्ग- उत्तर आनी दक्षीण गोंय दरेकी एक, जैविक विवीधताय संशोधन क्षेत्र- एक पुरस्कार अशां वर्गांत पुरस्कार दितात.

--------------------------------------------------

**IPL - 80 -**

**आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत, कोलकाता नाइट रायडर्स आनी पंजाब किंग्स हांचे मर्दी काल रार्ती, ईडन गार्डन्सांत सेगीत पावस आनी गडगड मारपाक लागिल्ल्यान, गूण वांटून गेले.**

--------------------------------------------------

**तापमान - 80 पळोवया आयचे तापमान -**

**पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, पणजेत चडात चड 35 पूज्य 2 अंश सेल्सियस जाल्यार, कमीत कमी 27 पूज्य 5 अंश सेल्सियस इतले तापमान नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस तापमान, 27 ते 35 अंश सेल्सियस मेरेन आसतले. काय वाठरांनी दमट, उष्ण वातावरण आसू येता.**

--------------------------------------------------